**सेंट फ्रान्सिस झेवियर पवित्र अवशेश प्रदर्शना खातीर सचिवालय**
**आनी उच्चाधिकार समन्वय समिती**

ता. 15 मार्च 2024

पोरणे गोंय हांगा 21 नोव्हेंबर 2024 ते 5 जानेवारी 2025 मेरेन जावपी सेंट फ्रान्सिस झेवियर पवित्र अवशेश प्रदर्शना संबंदीत आयोजीत सगळ्या कार्यक्रमांचेर देखरेख दवरपा खातीर सरकारान "प्रदर्शन सचिवालय" नावाची समिती स्थापन केल्या.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतेखाला स्थापन केल्ल्या प्रदर्शन सचिवालय समितीन पंचायत मंत्री मॉविन गुदिन्हो आनी पर्यावरण मंत्री आलेक्स सिक्वेरा हे उपाध्यक्ष आसात. सचीव (महसूल) श्री. संदीप जॅकीस, भौशीक बांदकाम खात्याचे प्रधान मुख्य अभियंता श्री. उत्तम पी. पार्सेकर, वीज खात्याचे मुख्य अभियंता श्री. स्टीफन फर्नांडिस, पुलीस अधीक्षक श्री. एडविन कुलासो, किरण पोडुवाल, भौशीक बांदकाम खात्याचे मुख्य आर्किटेक्ट श्री. मार्विन गोम्स, GSIDC चे अधिकारी श्री. संदीप के. प्रभू चोडणेकर, पुलीस उपअधिक्षक श्री. रॉय परेरा आनी श्री. सिद्धांत शिरोडकर हांचो आस्पाव आसा.

प्रदर्शन सचिवालयाचो पुलीस, येरादारी, पंचायत, पर्यटन खाते, भौशीक बांदकाम खाते अशा सगळ्या सरकारी यंत्रणांकडेन समन्वय आसतलो आनी आयोजन वेवस्थे खातीर खंयचेय प्राधिकरण/एजन्सी/सरकारी विभाग आनी अधिका-यांची सेवा मागोवपाक शकता.

तशेंच राज्य सरकारान मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतेखाला प्रदर्शना खातीर उच्चाधिकार समन्वय समिती स्थापन केल्या. उच्चाधिकार समन्वय समितीन 40 वांगडी आसात आनी ह्या वांगड्यामदी केंद्रीय पर्यटन राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक, पंचायत मंत्री मॉविन गुदिन्हो, भलायकी मंत्री श्री. विश्वजित राणे, पर्यावरण मंत्री श्री. आलेक्स सिक्वेरा, वीज मंत्री श्री. रामकृष्ण उर्फ सुदिन ढवळीकर, महसूल मंत्री आतानासिओ मोन्सेरात, पर्यटन मंत्री श्री. रोहन खंवटे, कला आनी संस्कृती मंत्री श्री गोविंद गावडे, विरोधी पक्ष फुडारी श्री युरी आलेमाव, उपसभापती श्री. जोशुआ डिसोझा आनी विधानसभेचे हेर वांगडी आनी सरकारी अधिकाऱ्यांचो आस्पाव आसा. उच्चाधिकार समन्वय समिती प्रदर्शनाचे आयोजन आनी वेवस्था कामाचेर देखरेख दवरतली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/189

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.